# प्रादेशिक खबरो

03.05.2025 @ 7.20 pm

शिरगांवा लईराई देवीच्या जात्रेत चेंगराचेंगरी प्रकरणाची चौकशी करपाक स्थापन केलली समीती फाल्या मेरेन अहवाल दीतली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या

गोंयचे राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्ले हाणी लायिराई देवीच्या जात्रेंतल्ल्या घडणुकें विशी तीव्र शोक परगटायला तर जाल्या जीवित हानीबद्दल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीय दुःख व्यक्त केला

राजभाशा खात्यान संस्कृत, कोंकणी आनी मराठी भाशेंत भाशा पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात

वेव्स बाजार 2025 त एक हजार कोटी रुपयां परस चड वेवसाय केला अशें म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू हांणी सांगलें.

शिरगांवा लईराई देवीच्या जात्रेत चेंगराचेंगरी प्रकरणाची चौकशी करपाक महसुल खात्याचे सचीव संदीप जेकीस हांच्या अध्यक्षते खाला 4 सदस्यीय समीती स्थापन केला.ही समीती फाल्या मेरेन ह्या घडणुकीचो अहवाल दीतली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.इतले मजगती उत्तर गोय जिल्होधीकारी स्नेहा गीते, उत्तर गोय पुलीस अधिक्षक अक्षत कौशल, उप जिल्होधीकारी ,दीवचलचे पुलीस निरीक्षक, तशेंच ड्युटीर आशील्ल्या पुलीस उप अधिक्षकाची बदली केल्याची म्हायती ह्यावेळार मेळ्ळ्या. ह्या चेंगराचेंगरीत ज्या 6 जणांक मरण आयला तांच्या घराब्यांक प्रत्येकी 10 लाख इतली सरकारी मजत दीतले जाल्यार गंभीर दुखापत जाल्या जखमींक 1 लाख रूपया अर्थीक मजत दीतले अशी घोशणा मुखेलमंत्र्यान केल्या.

मुखेलमंत्र्यान आयज पणजे महालक्ष्मी निवास स्थानाचेर मुखेल सचीव,पुलीस म्हासंचालक,गोमेकाचे डीन तशेच हेर अधिकाऱ्या सयत उच्च स्तरीय बसका घेतली. चेंगराचेंगरीत 28 जणांक गंभीर दुखापत जाल्यार 50 जणांक कीरकोळ दुखापत जाल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

गोंयचे राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्ले हाणी शिरगांवांतल्या लायिराई देवीच्या जात्रेंत घडिल्ल्या दुख्खद घडणुकेंत आपल्या लागींच्या आनी प्रियजनाक वगडायल्या कुटुंबांकडे तीव्र शोक परगटायला आनी हे घडणुकेंत जखमी जाल्ले लोक बेगीन बरे जावचे म्हूण प्रार्थना केल्या. गोंयांतल्या हे घडणुके उपरांत राज्यपाल पिल्लई केरळाची अधिकृत भेट सोपोवन रोखडोच गोंयांत परत येतले आनी हे घडणुकेचो परिणाम जाल्ल्या लोकांक चडांत चड मजत आनी सहकार दिवपाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा करतले अशी म्हायती मेळ्ळया. मजगती ह्या दुख्खद घडणुके उपरांत आनी मरण आयिल्या मनशांक आनी तांच्या कुटुंबां प्रती शोक उक्तावपा खातीर सरकारान फुडले तीन दिसां खातीर आशिल्ले सगळे सरकारी प्रायोजीत उत्सव, कार्यावळी आनी भौशीक उत्सव रद्द वा फुडें धुकलपाचो निर्देश दिला अशी म्हायती सामान्य प्रशासन खात्यान दिल्या.

गोयात शिरगावा फातोडर चेंगराचेंगरीत जाल्या जीवित हानीबद्दल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी दुःख व्यक्त केला. राष्ट्रपतींनी त्यांच्या संदेशात शोकग्रस्त कुटुंबिया प्रती संवेदना व्यक्त केल्यात आणि जखमींक बेगीन बरे जावपाक प्रार्थना केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीय घ्या घडणुकेन जाल्या जीवित हानीबद्दल दुःख व्यक्त केला. मोदी हांणी त्यांच्या संदेशात म्हणला की थळावे प्रशासन पीडितांक मदत करता . ज्यांनी आपले प्रियजन वगडायले त्यांच्याबद्दल त्यांनी संवेदना व्यक्त केल्यात आणि जखमींक बेगीन बरे जावचे अशी आशा व्यक्त केली

धोंणाच्या बेशिस्तपणाक लागुन लईराई देवीच्या जात्रेक होमखाणा वेळार चेंगराचेंगरी जाल्या अशे लईराई देवस्थान समितीचे अध्यक्ष दीनानाथ गांवकार हांणी दावो

केला. ह्या घडणुके खातीर देवळाची समिती तशेंच सरकार वा पुलिस जापसालदार ना अशे तांणी म्हणला. इतले मजगती ह्या चेंगराचेंगरीत 6 जणांक मरण आयला.हांतुन थिवीचो नागरीक 17 वरसाचो आदित्य कवठणकार तनुजा कवठणकार ,यशवंत केरकार तशेच कुंभारजुवेची प्रतिभा कलंगुटकार, सत्तरीचे सुर्यो नयेकार, पिळगांवचो सागर नंदरगडे हांचो आसपाव आसा.जाल्यार गोपाकडल्यान मेळिल्लया म्हायती प्रमाण 5 जाणांक गंभीर दुखापत , जाल्यार 80 जणांक किरकोळ दुखापत जाल्याचे कळटा. इतलेमजगती आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जखमी मनशांची भेट घेतली. हे शिवाय विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, मंत्री गोविंद गावडे हांणी लेगीत गोमेकॉत वचुन जखमींची भेट घेतली. राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे आनी लोकसभा खासदार श्रीपाद नायक हांणी शिरगांवा घडणुक सुवातेर वचुन ह्या घडनुकी विंशीचो नियाळ घेवन सध्यस्थिती जाणुन घेतली.

मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, सुरवातेक होमखणा कडेन वतना दोग जाण जमनीर पडले. तेन्ना ही खेटाखेट जाली. ह्या वेळार रस्त्या कुशीक आशिल्ल्या दुकानांचेर धोंड कोसळ्ळे. दुकानांक वीज पुरवण करपी विजेच्यो वायरी तुटील्ल्यान कांय जाणांक शॉक लागिल्ल्याची शक्यताय आसा. कांय जाण कोयते आनी हेर अवजारा विकपी दुकानांचेर पडून जखमी जाले. सकाळीं 3 वरांचे सुमाराक ही घडणूक घडली. जात्रेक सुमार 2 लाख लोक हाजीर आशिल्ले. पुलिसांनी सादूर रावून प्रकरण हाताळपा खातीर सगळे यत्न केले. खेटाखेटीं उपरांत 30 जाणांक म्हापशेंच्या जिल्हो हॉस्पिटलांत व्हेले. तातूंतल्या 4 भक्तांक मरण आयलें. दिवचले हॉस्पिटलांत दोन भक्तांक मरण आयलें. जखमींक म्हापशें, दिवचले आनी जीएमसींत दाखल केल्यात. सध्या जींएमसींत 6 जाणांचेर उपचार चलतात. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेंच मंत्री नीळकंठ हळर्णकार, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणीय हॉस्पिटलाक भेट दिवन जखमींची विचार पुस केली

शिरगावा लईराई देवी जात्रा चेंगराचेंगरी प्रकरणाची निवृत्त न्यायाधीशा वरवी न्यायालयीन चौकशी जावची अशी मागणी कोग्रेसीचे गोंय प्रभारी माणीकराव ठाकरे हांणी केल्या. तशेंच ह्या घडणुकेत मरण आईलया  मनशांच्या प्रत्येकी घराब्यांक 20 लाख रूपया मजत दीवची ,ते भायर गंभीर दुखापत जाल्ल्या मनशांक 10 लाख आनी हेर दुखापत जाल्ल्या मनशांक 5 लाख रूपया प्रत्येकी मजत दीवची अशी मागणी तांणी पणजे काग्रेस हावसात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार केल्या. शिरगांवा जात्रेक दर वर्सा हजारांनी भावीक येता ,त्या नदरेतल्यान आपत्ती वेवस्थापन, cctv surveillance, भावीकाक मंदीरात तशेच मंदीरा भायर यो वच करपाखातीर खासा उपाय येवजण,सुरक्षेच्या नदरेतल्यान तयारी आसपाक जाय,मात ही घडणुक पळयल्यार गोंय सरकाराक प्रशासन आनी कायदो आनी सुवेवस्था सामाळपाक जमना अशे दीसता असो आरोप ठाकरे हांणी ह्यावेळार केला.

राजभाशा खात्यान संस्कृत, कोंकणी आनी मराठी भाशेंत भाशा पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात. फाटलीं दोन वर्सां दिवपाचे भाशा पुरस्कारा खातीर उरिल्ले तशेंच अंदू वर्साचे भाशा पुरस्कार आतां दितलें. राजभास संचालनालयान काडिल्ल्या परिपत्रकांत दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाशा पुरस्कार, ज्ञानपीठ जैतिवंत रवींद्र केळेकार कोंकणी भाशा पुरस्कार आनी बी. डी. सातोस्कार मराठी भाशा पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात.ह्या पुरस्कारां खातीर गोंयचे भाशेच्या विद्वानांची नांवां प्रस्तावीत करपा खातीर राजभास संचालनालयान व्यक्ती, भौस, संस्था कडल्यान प्रस्ताव मागल्यात. गोंयांत रावपी मूळ गोंयकार जाणीं उण्यांत उणीं 50 वर्सां शिकोवप, अणकार, बरोवप आदीच्या माध्यमांतल्यान भाशेचो प्रचार करपाक योगदान दिलां तो पुरस्कारां खातीर अर्ज करपाक शकता.हे येवजणेची सविस्तर म्हायती राजभास संचालनालयाची कचेरी, जुन्ता हावस पणजी हांगा मेळू येता. हे अर्ज 9 मे पयली सादर करचे अशें कळयलां.

टपाल खात्यान ‘ज्ञान पोस्ट’ नांवाची नवी सेवा सुरू केल्या, जी पुस्तकां सारकिल्या शिक्षणीक साहित्याच्या येरादारी खातीर अनुदानीत दरान उपलब्ध करता अशें

दळणवळण मंत्रालयान 28 एप्रिलक राजपत्रीत अधिसुचोवणेंत सांगलां. ही सेवा अनुक्रमान 300 ग्राम ते 5 किलो  वजनाच्या पॅकेजीं खातीर 20 ते 100 रुपया मेरेन परवडपी दरांत मेळटली. ज्ञान टपाल सेवा 1 मे 2025 दिसा चालीक लायिल्ली आनी भारतांतल्या सगळ्या विभागीय टपाल कार्यालयांनी ती कार्यरत आसा.

## वेव्स

वेव्स बाजार 2025 त एक हजार कोटी रुपयां परस चड वेवसाय केला अशें म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू हांणी आयज सांगलें. मुंबयत जावपी वेव्स समिटांतलो मुखेल जागतीक बाजारपेठ उपक्रम वेव्स बाजार, प्रसार माध्यम आनी मनरिजवण उद्देगांतल्या आंतरराष्ट्रीय सहकार्या खातीर  एक बळिश्ट उत्प्रेरक म्हणून उदेला. तो एक समर्पीत माची आसा जंय उद्देग वेवसायीक जोडपाक, सहकार्य करपाक आनी नवयो  वेवसाय संद सोदून काडपाक एकठांय येतांत. मुंबयंत पत्रकारां कडेन उलयतना जाजू हांणी सांगलें,की  वेव्स मार्केटांत उच्च दर्जाच्यो  कंपनीं वांटो घेतात.

## तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **35.5** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **27** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **71 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **35-28** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस चडशे  हवामान वताळ आसले तरिय काय वाठरांनी दमट ढगाळ  वातावरण आसू येता अशे वेधशाळेन म्हळा.

नमस्कार